# Akashwani Panaji
# Regional News

**7.20 pm** **23rd Feb 2026**

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यान फोंण्या म्हालित 'गृह आधार' खातीर आयोजीत केल्ल्या खाशेल्या शिबिराचें उक्तावण केलें.जिवीत आशील्ल्याचे प्रमाणपत्रां, उत्पन्न प्रमाणपत्रां, आधार कार्ड लिंन्क करपाक तंत्रिक कारणाखातीर सुमार 2000 लावार्थ्यांक वितरण बंद जाल्लीं प्रलंबीत केशीं सोडोवपाक हे खाशेलें शिबिर घडोवन हाडलां आनी चडांत चड केशी जाग्यारच निवळ करप हो ध्येय आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळे.बायलांनी तांचे कागदपत्र घेवन येवचें आनी ह्या शिबिराचो लाव घेवचो अशें आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केलें .

पणजी महापालिका वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज भरपाक आयज निमाणो दीस आशिल्लो. आतां मेरेन ३० प्रभागां खातीर ७८ उमेदवारांनी अर्ज दाखल केल्यात. सतरा प्रभागांत दोन पक्षां मदीं, णव प्रभागांत तीन, तीन प्रभागांत चार जाणां मदीं लढाय जावपाची शक्यताय आसा. प्रभाग नंबर २६त सगल्यांत चड ५ उमेदवार इत्सूक आसात. अर्जांची छाननी फाल्यां जातली. अर्ज फाटीं घेवपाची निमाणी मुजत २६ फेब्रुवारीक दनपरां ३ वरां मेरेन आसा.महापालिका वेंचणुके खातीर मतदान ११ मार्चाक जातलें. जाल्यार १३ मार्चाक निकाल लागतलो.वेंचणुकेंत भाजपाक समर्थन करपी मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांचें पॅनल आनी उत्पल पर्रीकार हांच्या आमी पणजेकार हांच्या पॅनला मदीं सरळ लडत जातली. पयलीं बाबूश हांच्या पॅनलान तिसूय प्रभागांत उमेदवार दिल्यात. आमी पणजेकार पॅनलान लेगीत ३० प्रभागांत उमेदवार दिल्ल्याचें daतप्रसाद नायक हांणी सांगलें.

नार्वे प्रस्तावीत आरती घाट प्रकल्प रद्द करपाचो निर्णय मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मान्य केल्ल्या खातीर गोंय पुनर्वसन मंडळाचे अध्यक्ष आनी कुंभारजूचे आमदार राजेश फळदेसाय हांणी मुखेलमंत्र्याचे उपकार मानल्यात.सुमार 11 कोटी रुपया खर्चान चालीक लावपाचो आशिल्लो आरती घाट प्रकल्प पर्यटन उदरगत उपक्रमांतल्यान गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळ चालीक लावपाचो आशिल्लो.सुरवेक हो प्रकल्प सद्याच्या मसणभुंये पासून फावो त्या अंतराचेर स्थापन करपाची येवजण आशिल्ली पूण उपरांतच्या घडामोडींत मसणभुंयेच्या सामक्या लागीं काम सुरू जालें.ताका लागुन ह्या प्रकल्पाक थळाव्या नागरीकांनी विरोध केल्लो.नार्वेतल्या ह्या मसणभुंयेंत थळावे लोकच न्हय तर रायबंदर, माशेल ह्या शेजारच्या वाठारांतल्या नागरिकांचोय व्हड प्रमाणांत उपेग जाता. देखून ही सुवात खूब संवेदनशील आनी जायत्या समाजां खातीर म्हत्वाची आसा अशें आमदार राजेश फळदेसाय हांणी मुखेलमंत्र्याच्या नदरेक हाडील्ले.

गोंयच्या आकाश एज्युकेशनल सर्विसेस लिमिटेड गोय फाट्यात शिक्षण घेवपी 8 विद्यार्थ्यांनी जेईई मेन 2026 (सत्र 1) हातूंत उत्कृश्ट कामगिरी करून आपल्या शिक्षणीक कार्यावळीच्या यशाची गवाय परत एक फावट दिल्या.राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडल्यान 16 फेब्रुवारीक जाहीर केल्ल्या निकाला प्रमाण गोवा प्रदेशांतल्या आकाश संस्थांतल्या 8 विद्यार्थ्यांनी जेईई मेन 2026 वर्सा उल्लेखनीय यश मेळयलें.हांतुन अमित सिंग(99.09) टक्केवारी घेवन पयलो क्रमांक मेळयलो, जाल्यार रिझान शेख 98.70टक्के, विभोर पेडनेकार 98.69 टक्के. इशान अहिरवार आनी सलोनी उत्गी ह्या दोगांयनी 98.55 टक्के, जाल्यार अहान बेर्या हांणी 98.51 टक्के मेळयले. गौरव शेखावतान 98.46 टक्के आनी चंतल मारियान 98.27 टक्के इतकी टक्केवारी मेळयल्या.विद्यार्थ्यांच्या यशाबद्दल प्रतिक्रिया दीतना आकाश एज्युकेशनल सर्व्हिसेस लिमिटेडचे चीफ ऑफ अकॅडमिक्स आणि बिझनेस हेड डॉ. एच. आर. राव हांणी सांगले की विद्यार्थ्यांच्या मेहनतीचो आमका अभिमान आसा आणि या यशाबद्दल आम्ही तांका काळजासांवन परबी भेटयता.

स्टार्ट अप धोरण, शिक्षणीक सुविदा आनी तरेकवार उपक्रमाक लागून विद्यार्थी तशेच तरणाट्यांक करीयर करपाची सगळ्यात चड संद गोंयांत आस. गोंय हे देशातले सर्वोत्तम इनोवेशन हब जातलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ताळगाव डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर मंगळारा कॉन्वर्ज 3.0 परिशदेचे उक्तावण जाले. हे वेळार मुखेलमंत्री उलयताले. हे परिशदेत विद्यार्थी तशेच उद्येजक वाटेकार जाल्या.गोंयांत नामनेच्यो शिक्षण संस्था आसा. म्हाविद्यालयां तशेच विद्यालयांनी सगळ्याे सुविदा उपलब्ध आसा. हे भायर स्टार्ट अप धोरण तयार जालां. कुशळटाय प्रशिक्षणा सयत तरेकवार अभ्यासक्रम उपलब्ध आसा. हाका लागून नोकरे सयत स्टार्ट अप सुरू करप शक्य आसा.

गोंय भारताची innovation capital राजधानी जावंक जाय अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तांणी तरणाट्यांक नवे विचार आनी उपाय तयार करपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक प्रोत्साहन दिलें, तांणी फकत नोकरी सोदपी न्हय तर राज्याची प्रगती चालीक लावपी नोकरी निर्माण करपी आनी नवनिर्माण करपी तरणाट्यांची इत्सा आसूंक जाय हाचेर भर दिलो.

"शिक्षा उद्योजक संगम" नांवाचो CONVERGE 3.0 हो 2026 वर्साचो गोंय सरकाराचो उपक्रमाच्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री उलयताले. उच्च शिक्षण संचालनालय गोंय, गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळाच्या जोडपिलवान ही कार्यावळ आयोजीत केल्या.अंदूच्या कार्यावळीच्या खाशेलपणांत शिक्षणांतल्या एआयचेर लक्ष केंद्रीत करप, स्मार्ट सिटी सोल्युशन्स, आनी टिकावू उदरगत हांचो आस्पाव आसा.आयज संवसार कृत्रिम बुध्दी, ऑटोमेशन, डीप टेक आनी स्पेस टेक्नॉलॉजीन चलता, जें आतां वास्तव

जालां अशें मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. भारतांतली 65% परस चड लोकसंख्या 35 वर्सां सकयल आसा हें उजवाडाक हाडून तांणी नदरेक हाडलें की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी चड करून युवा शक्तीक राष्ट्राची सगळ्यांत व्हडली बळगें म्हणटात. जेन झी आनी जेन आल्फा हांकां आपली डिजिटल कुशळटाय आनी अभिनव मानसिकताय आपलो सगळ्यांत व्हडलो फायदो म्हणून वापरचो अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

समाजीक भलायके खातीर आशिल्ल्या वचनबद्धतेचो एक भाग म्हूण व्हाइट स्टॉर्क आयव्हीएफान इंडियन रेड क्रॉस सोसायटी, गोंयच्या जोडपालवान काय दिसांनी राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी फुडल्या म्हयन्यात फुकट फर्टीलीटी शिबिरां घडोवन हाडटले, हयावेळार सल्लो घेवपी जोडप्यांक फर्टीलिटीविंशी मार्गदर्शन दिवप हो ह्या शिबिरांचो हेत आसा. भुरगे जावपाक कळाव जावपी जोडप्यंखातीर आय.व्ह एफ ही आधुनिक उपचार पध्दत आसा. ताचो लाव ह्या उपचारांक इत्सुक शिल्लया गोंयच्या दम्पत्याकं मेळचो म्हण व्हाइट स्टॉर्क आयव्हीएफ भलायक हॉस्पिटलांवतीन हो उपक्रम चालीक लायतले अशी म्हायती हॉस्पिटलाचे संस्थापक निकुंज गुप्ता हांणी दिल्या.

स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ बोरी हांच्या केजी आनी प्राथमीक शाळेंत हालींच कलानंद प्रदर्शन व्हड उमेदीन जालें.ह्या प्रदर्शनांत वर्ग 1 ते 4 मेरेनच्या भुरग्यां खातीर पूर्वनियोजीत प्रकल्प आसतात. ताचे विशीं म्हायती भुरग्यांक वर्सभर दितात.

गोय विद्यापीठ गोय  राज्य संशोधन फावंडेशनान प्रायोजीत केल्ल्या इंडस्ट्रीयल इस्टेट इन गोवा: इंटरप्रिन्युरीयल परस्प्शेन, परफोरमन्स and रीजनल डिस्पेरीटीस" ह्या विशयाचेर संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपा खातीर संशोधन सहाय्यकाच्या दोन पदां खातीर पात्र उमेदवारांक अर्ज मागल्यात .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 33 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 26 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

गोय विद्यापीठाच्या आंतर महाविद्यालयीन दादल्यांच्या हॉकी सापर्डेत म्हापशाच्या st xaviers महाविद्यालय विजेते जाले.अंतिम सामन्यात पाणी म्हापशाच्या श्रीडोरा काकुलो महाविद्यालयाक ५-२ ह्या फरकानं हरायले.